प्रादेशिक खबरो  १०.०७.२०२५ @ ७.२०

आयज कुडतरी पंचायत सभाघरात राष्ट्रीय मत्स्यपालन दिस मनयलो.

रानटी झाडांर वाडपी अळंबी व्हड प्रमाणांत काडून उडोवचे न्हय अशी विनंती गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळान लोकांक केल्या.

दर्जेदार शिक्षणा संबंदी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे पयली ते आठवी मेरेनचे विद्यार्थी आनी शिक्षकां कडे 12 जुलयाक सकाळीं 11 वरांचेर 'वर्च्युअली ' संवाद सादतले

वेगवेगळया संस्थांनी आनी शाळांनी वेगवेगळया सांस्कृतीक आनी धर्मीक कार्यावळींनी गुरू पूर्णिमा मनयली

महेश 170

आयज कुडतरी पंचायत सभाघरात राष्ट्रीय मत्स्यपालन दिस मनयलो. मुखेल सोयरे म्हण नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री नीलकंठ हळर्णकर अशिले .कुडतरीचे आमदार अलेक्स रेजिनाल्ड लॉरन्स, कुडतरीचे सरपंच Clive Esteibeiro, नुस्तेमारी खात्याचे सेक्रेटरी IAS प्रसन्न आचार्य, नुस्तेमारी खात्यांची संचालक dr. शमीला मोंतेरो आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. राष्ट्रीय मत्स्यपालन दिस हो डॉ. हिरालाल चौधरी आणि डॉ. खालिकुन्ही यांच्या ईतिहासिक कामगिरीचे स्मरण करता. त्यांनी १९५७ त भारतीय मुखेल कार्प नुस्त्याचे यशस्वीरित्या प्रजनन केले जाका लागून देशात अंतर्गत मत्स्यपालनात क्रांती घडली. या दूरदर्शी संशोधनान गोव्यात मत्स्यपालन पद्धतींना चालना मेळली आणि राज्यातल्या नुसते उत्पादनात वाढ झाली.राज्यातल्या प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा योजनेच्या यशस्वी अंमलबजावणीखातीर आणि मत्स्यव्यवसाय क्षेत्रात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाक केल्या प्रयत्नांबद्दल हळर्णकर यांनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांचे कौतुक केले.

प्रधान मंत्री मत्स्य संपदा येवजणेच्या काय लावर्थ्यांनी आपले अणभव सांगले. सुमार 100 नुस्ते शेतकरांक तांच्या वावराखातीर गौरव करपाक गौरव प्रमाण पत्रा भेटयली. तशेच काय शेतकरांक PMSSY येवजणेची मंजुरी पत्रा भेटयली. कासवांचे सवरक्षण आनी तांका सुरक्षित दवरपी काय जाणाक गौरव प्रमाण पत्रा भेटयली.सरकारकडल्यान फावो ती मजत करपाक आपण सदाच वावूरतलो अशे मंत्री नीलकंठ हळर्णकर हाणी सांगले.

सुभाष 120

भारत सरकाराच्या शाळा शिक्षण आनी साक्षरता खात्यान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक नेमा प्रमाण राज्यातल्या सगळया माध्यमिक शाळांनी साकर आनी तेलाच्या घटकाविशी जेवणातल्या वापरा संबंधीचे माहितीचे तकटे शाळेंत प्रदर्शीत करचे अशें गोवा समग्र शिक्षा विभागाचे संचालक डॉ. शंभू घाडी हांणी मागला. शाळांनी हे संबंदीची मार्गदर्शक तत्वां पाळूंक जाय अशें तांणी सुचयला.

तेल आनी साकरेच्या हानीकारक वापरा विशीं जागृताय करपा खातीर सामान्य वाठारांनी जशें कॅफेटेरिया, लॉबी, बसका कक्ष आनी हेर भौशीक सुवातींनी स्थिर पोस्टर, आदी माहिती पत्रकां लावची अशे ह्या मार्गदर्शक नेमावळींत सुचयला. शाळांनी सकस जेवण खाणांक उर्बा दिवंचें तशेंच साकर आशिल्लीं पेयां आनी चड चरबी आशिल्ले खाण खावंचे न्हंय अशें मांगलां. शाळांनी केल्ल्या जागृताय कार्यावळीची म्हायती ई - मेला वरवी गोवा समग्र शिक्षा विभागाक कळोवची अशें प्रकल्प संचालक शंभू घाडी हांणी मागला.

.

DIP 110

पावसाच्या दिसांनी रानटी झाडार वाडपी अळंबी व्हड प्रमाणांत काडून उडोवची न्हय अशी विनंती गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळान लोकांक केल्या. अळंबी जातीची राखण करपाखातीर लोकांनी पन्नास टक्के अळंबी रोईणीचेर दवरचे. रानांत रोईणीचेर वाडपी अळंबी व्हड प्रमाणांत कापल्यार पर्यावरणीय समतोल बिघडता. आयज जायत्या अळंबी

जातींचो नाश जाला. तेच प्रमाण पुरायपणान वाडूंक नाशिल्लीं ल्हान अळंबी कापल्यार फुडल्या वर्सा अळंबी वाडपाचें प्रमाण उणें जाता. फुडल्या वर्सा अळंबी वाडपाखातीर पुरायपणान वाडिल्ली अळंबी रोईणीचेर कुसची पडटा आनी जमनींत विरगळची पडटा. तशेंच बारीक अळंबी काडून उडयल्यार रोईणीचेर अळयांक धोको निर्माण जाता आनी पर्यावरणीय समतोल बिघडता. पर्यावरणाचो समतोल बिघडील्यान माकड तापासारको संसर्ग पसरपाची शक्यता असता.खाजगी रानमालकांनीय आपल्या रानटी रोईणीचेर वाडपी अळंबीची राखण करपाचो यत्न करचो अशे मंडळान मागला

गणेश 80

दर्जेदार शिक्षणा संबंदी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे पयली ते आठवी मेरेनचे विद्यार्थी आनी शिक्षकां कडे 12 जुलयाक सकाळीं 11 वरांचेर ‘वर्च्युअली ’ संवाद सादतले अशे शिक्षण संचालकांन परिपत्रक जारी केलां. हे कार्यावळींत मुख्याध्यापक, शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांक मुख्यमंत्र्या कडेन संवाद सादपाची संद मेळटली. आणि ते खातीर गरजेची वेवस्था करची अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी परिपत्रक जारी केलां. संवाद सादपी कार्यावळीची लिंक एक दीस आदींच धाडटले. सरकारान फाटल्या वर्सा पयली ते आठवी वर्गा मेरेन मूल्यांचेर आदारिल्लो शिक्षणीक उपक्रम सुरू केला. ह्या उपक्रमाचो नियाळ मुखेलमंत्री ह्या संवादांतल्यान घेतले.

DIP/ गणेश  120

९ ऑक्टोबर ते १२ ऑक्टोबर २०२५ या कालावधीत जाव्पी आंतरराष्ट्रीय पर्पल महोत्सव - गोवा २०२५ च्या तयारीचो एक भाग म्हणून, गोयचे समाज कल्याण आणि अपंग व्यक्ती सक्षमीकरण मंत्री सुभाष फळदेसाय हानी राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त गुरुप्रसाद पावसकर यांच्यासयत नवी दिल्लीक भेट दिली. या वरसाच्या उत्सवाची संकल्पना: 'युनिव्हर्सल डिझाइन - कृतीत समावेशक विचारसरणी' अशी आसा. गोवा शिष्टमंडळान केंद्र सरकारच्या खूपशा मुखेल मंत्र्यांक औपचारिक निमंत्रण दिले आणि गोयातल्या दिव्यांग व्यक्तींकडे संबंधित

वेगवेगळया मुद्द्यांचेर चर्चा केली. शिष्टमंडळान दिल्लीच्या मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता, गृहमंत्री आशिष सूद, आणि समाज कल्याण मंत्री रविंदर सिंग (इंद्रराज) यांचीय भेट घेतली. दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हांचे वांगडा जाल्या बसकेत, दिव्यांग व्यक्तींच्या कल्याण आणि सक्षमीकरणाकडे संबंधित वेगवेगळया मुद्द्यांर चर्चा केली आणी अशा तरेचो उत्सव दिल्लीत आयोजित करपाक सल्लागार आणि मार्गदर्शन दिवपाची गोवा समाज कल्याण मंत्र्यांक विनंती केली

राजेश ५०

रवींद्र भवन साखळी हांगा फाल्या 11 जुलैक नामनेचे अभिनेते तशेच दिग्दर्शक सुबोध भावे हांची गप्पागोष्टी ही कार्यावळ जातली. रवींद्र भवनाच्या मनोहरबुवा शिरगावकर सभागृहात सांजवेळा सात वरांचेर जावपी हे कार्यावळीत सिद्धी उपाध्ये तांचेकडे संवाद सादतल. हे कार्यावळीक रसिकांनी वडा संखेन हजर रावचे अशे आवाहन साखळी रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर हाणीं केला.

प्रसाद १३०

गुरू पूनव हो भारतीय संस्कृतायेंतलो एक सामको पवित्र उत्सव, गुरू आनी शिश्य हांचेमदल्या पवित्र संबंदाक मान दिवपाखातीर हो दीस मनयतात. हो दीस आमकां काळखांतल्यान उजवाडाक व्हरपी, जिवितांत आमचो मार्गदर्शक जावपी मनशाक समर्पित आसा – तो म्हणल्यार "गुरू". गुरू पूर्णिमाक वेद व्यास पूर्णिमा अशेंय म्हण्टात, कारण महर्षी वेद व्यासाचो जल्म ह्याच दिसा जालो. तानि चार वेद – ऋग्वेद, यजुर्वेद, सामवेद आनी अथर्ववेद – संकलित करून पुराणांची रचना केली. ताका गिन्यानाचें प्रतीक आनी पयलो गुरू मानतात.ह्या निमतान फोंडा तालुक्यांतल्या वेगवेगळया संस्थांनी आनी शाळांनी वेगवेगळया सांस्कृतीक आनी धर्मीक कार्यावळींनी हो दीस मनयलो. फोंडा तालुक्यांतल्या वेगवेगळया दत्त देवळांनी आनी बोरींतल्या साई बाबा देवळांत हो उत्सव व्हड भक्तीन मनयलो.

स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ मुळाव्या शाळेंत आनी बोरी फोंडांतल्या स्वामी विवेकानंद विद्यालयांत गुरू पौर्णिमा उत्सवा  निमतान मातृ पितृ पुजा केली. ह्या वेळार उलयतना संस्थेचे वेवस्थापक मीनानाथ उपाध्ये हांणी सांगलें बायत

DIP ४०

नुस्तेमारी संचालनालय, दयानंद बांदोडकर मार्ग, पणजी हांगा फाल्या 11 जुलय क  दनपारां 2.30 वरा सावन धव्या सुंगटांची विक्री पयली येवप्याक पयली हे तत्वार  स्टॉक सोपमेरेन करतले . सुंगटांची विक्री किलाक 350/- रूपया दरान करतले. नुस्तेमारी खात्यान आपल्या एला धावजी हांगाच्या फार्मात सुंगटांची उत्पत्ती  केल्या.

DIP 50

कला आनी संस्कृती संचालनालयान पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान ता. 11 ते 17 जुलय  मेरेन कला दालन, संस्कृती भवन , पाटो पणजी हांगा लघु प्रतिकृती चित्रकला (Miniature Painting) कार्यशाळेचें आयोजन केला. कार्यशाळेत लघु प्रतिकृती चित्रकलेचे सविस्तर प्रशिक्षण दितले. कार्यशाळेत सहभागी प्रशिक्षणार्थींक राजस्थानच्या तज्ञ प्रशिक्षकां कडल्यान प्रात्यक्षिकां सयत प्रशिक्षण दितले.

Dhankar 60

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी आज नवी दिल्लीत जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठात भारतीय ज्ञान प्रणालीं वेल्या परिषदेचे उक्तावण केले. युरोपातली विद्यापीठां अस्तित्वात येवपाच्या खूप पयलीसावन भारतातल्या विद्यापीठांनी स्वतः क शिक्षणाची समृद्ध केंद्रां म्हण स्थापित केल्ले .प्राचीन भारतात तक्षशिला,

नालंदा, विक्रमशिला, वल्लभी आणि ओदंतपुरी हान्चो आसपाव आसा. या संस्थांक ज्ञानाचे उंच किल्ले म्हणत उपराष्ट्रपतींनी नमूद केले की या केंद्रांच्या ग्रंथालयांनी ज्ञानाचो विशाल महासागर आशिल्लो, जातुन हजारांनी हस्तलिखिता आशिल्ली

स्पोर्ट्स 110

गोवा ऑलिंपिक असोसिएशन (जीओए) ची वरसुकी आमसभा १८ जुलै क जातली. तेदे वेलार संघटनेच्या वेचनुकीची तारीख निश्चित करतले तसेच निवडणूक अधिकारीही नियुक्त करतले. 'जीओए'च्या अध्यक्षपदार केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नाईक, तर सचिव पदार गुरुदत्त भक्ता आसात. राष्ट्रीय खेळा आचार संहिते प्रमाण 'जीओए'ची आगामी वेच्णूक जाल्यार सध्याच्या कार्यकारिणीतले चडशे पदाधिकारी-सदस्य वेचणूक लडोवपाक अपात्र ठरतले. फाटले वेचनुकेत 'जीओए'न खेळा आचार संहिता पाळूक या कारणाक लागून आगामी वेचणूक महत्त्वाची आसतली

Imd 90

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न मुखावेल्या २४ वरांखातीर दिल्ली आणि लगीच्या NCR प्रदेशात आणि पंजाबात पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३१.७डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25. डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता. आकाशवाणी न्यूजकडे खासा संवाद साधताना, IMD चे वरिष्ठ शास्त्रज्ञ आर के जेनामानी यांनी माहिती दिली की